# विद्यार्थ्यांनी डॉ. फ्रान्सिस्को लुईस गोम्स हांच्या जीणेपासून प्रेरणा घेवपाचो उलो

ता. 30 सप्टेंबर 2025

विद्यार्थ्यांनी सर्गेस्त डॉ. फ्रान्सिस्को लुईस गोम्स ह्याची जीण आनी कार्यातल्यान प्रेरणा घेवन देशाच्या भल्याखातीर निसुवार्थपणान काम करपाचो उलो भौशीक बांदकाम मंत्री श्री. दिगंबर कामत हांणी मरला. आयज दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयान डॉ. फ्रान्सिस्को लुईस गोम्स हांच्या पुण्यतिथी निमतान नावेली साश्ट हांगा आयोजीत राज्य पांवड्या वयल्या कार्यक्रमात श्री. कामत उलयताले.

श्री. कामत हांणी सांगलें, डॉ. फ्रान्सिस्को लुईस गोम्स हे एक म्हान विचारवंत आशिल्लें जांणी पोर्तुगीज संसदेत स्वातंत्र्या खातीर आवाज काडून राष्ट्रवादाचो पुरस्कार केलो. ते एक खरे देशभक्त आशिल्लें जांणी सामाजिक न्याय आनी समानताये खातीर आपल्या पदाचा वापर केलो.

शिक्षण हे मनशाच्या उदरगती खातीर सर्वोत्तम साधन आसा. जीणेत शिक्षणाक पर्याय ना, अशें सांगून श्री. कामत हांणी नावेलीच्या गांवान शिक्षणाच्या मळार केल्ल्या उदरगतीची तोखणाय केली.

समाजात नैतिक मूल्यांचो प्रसार करपाचे काम घरातल्यान आनी प्राथमिक शिक्षणातल्यान जावपाक जाय, अशें सांगून श्री. कामत हांणी दिसपट्टे जीणेत डॉ. गोम्स हांच्या तत्त्वांचे पालन करप ही तांका खरी श्रद्धांजली थारतली, अशें सांगलें.

सर्गेस्त डॉ. फ्रान्सिस्को लुईस गोम्स मेमोरियल ट्रस्टाचे अध्यक्ष श्री. लुईझिन फालेरो हांणी भारतीय स्वातंत्र्य चळवळ सुरू जावपाच्या 30 वर्सां पयली डॉ. गोम्स हांणी पोर्तुगीज संसदेत भारताखातीर राष्ट्रवादाचो मुद्दो मांडलेलो, अशें सांगलें. ट्रस्टान नावेली हांगा डॉ. गोम्स हांच्या नावान स्थापन केल्ले ग्रंथालय हे देशातल्या सर्वोत्तम ग्रंथालयांमदले एक आशिल्ल्याचें सांगलें आनी तरणाट्या पिळगेन ह्या ग्रंथालयाचो लाव घेवपाचो उलो मारलो. तशेंच तांणी हो कार्यक्रम आयोजीत करपा खातीर दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी आनी हेर खात्यांनी सहकार्य केल्ले खातीर उपकार मानले.

फादर गॅब्रिएल कुतिन्हो हांणी जीणेत यश मेळोवपा खातीर डॉ. गोम्स हांच्या विचारसरणीचे पालन करपाची गरज व्यक्त केली.

नावेलीचे आमदार श्री. उल्हास तुयेंकर, आदले आमदार श्री. आवेर्तान फुर्तादो, दक्षीण गोंयच्यो जिल्हाधिकारी श्रीमती. एग्ना क्लीटस, दक्षीण गोंय एसपी श्री. टिकमसिंग वर्मा, जिल्हा पंचायत सदस्य श्री. एडविन कार्दोज, स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. रोहिदास देसाय, नावेलीचे सरपंच श्री. पॉल परेरा ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार नावेली वाठारांतल्या शाळांच्या भुरग्यांनी देशभक्ती गीतां सादर केली.

श्री. आवितो पिरीस द मिनेझिस हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/   / विगां/ 2025/797

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.